GIPARD

# GOA INSTITUTE OF PUBLIC ADMINISTRATION & RURAL DEVELOPMENT



# Panchayati Raj Institutions and COVID – 19: Challenges And The Way Ahead.

(Let's beat it together)

GIPARD

# गोंय भौशीक प्रशासन आनी ग्रामीण विकास संस्था

(जिपार्ड)

# आयती म्हायती कोठी

# पंचायतराज संस्था आनी कोवीड-19: आव्हानां आनी फुडली वाट

(आमी एकठांय जावन ताका हारोवया)

एला, पोरणें गोंय

एप्रील 2020

## विशयसुची


1. प्रास्ताविक.

2. ग्राम पंचायतींच्या मुखा वेलीं आव्हानां.

2.1 भलायके संबंधींचीं आव्हानां.

2.1.1 पंचायतींचीं भूमिका आनी हीं आव्हानां पेलपा खातीरची तयारी.

2.1.2 ज्येश्ठ नागरिकांचेर खासा लक्ष दिवप.

2.3 अर्थीक आव्हानां.

2.3.1 हीं अर्थीक आव्हानां पेलपा खातीर पंचायतींची भूमिका.

2.4 सामाजीक आव्हानां.

2.4.1 सामाजीक आव्हानां पेलपाच्या वावरांत पंचायतींची भूमिका.

2.5 मानसीक प्रस्न

2.5.1 मानसीक प्रस्न हाताळपाचो पंचायतीं खातीर वावर.

2.6 असंघटीत मनीस बळाच्या वेवस्थापनांत पंचायतींची भूमिका.

3 पंचायतीं कडल्यान चडावत येत्न.

3.1 डेटाबेज तयार करप.

3.2 गांव पांवड्या वयल्या समितींक क्रियाशील करप.

3.2.1 समितींची भूमिका.

3.3 सार्वत्रीक काळजी/पूर्वतयारी.



# उद्देश

कोवीड-19 क लागून जीं आव्हानां, समस्या आनी प्रस्न उप्रासल्यात ते थळाव्या संस्थांक कळचे ह्या उद्देशान ही आयती म्हायती कोठी तयार केल्या. हे आयत्या म्हायती कोठयेचो वापर करतगीर तांकां आपल्या गांवांतल्यो हुस्को करपा सारख्यो गजाली मतींत येतल्यो आनी त्यो सुटाव्यो करपा खातीर तांकां मार्गदर्शन जातलें.

ही पुस्तिका पंचायत राज संस्थांच्या ह्या विशींच्या प्रशिक्षणाक फायदो जावचो म्हण तयार केल्या. / कोवीड-19च्या कठीण काळांत सगल्याच गजालींचेर वायट परिणाम जाला. असल्या वेळार पंचायतीं मुखार आशिल्लीं आव्हानां येशस्वी रितीन पेलपा खातीर तांचे मदीं क्षमता येवची हो हे म्हायती पुस्तिकेचो उद्देश जावन आसा.

# पंचायतराज संस्था आनी कोवीड-19: आव्हानां आनी फुडली वाट

(आमी एकठांय जावन ताका हारोवया)

## 1. प्रास्ताविक:

कोवीड -19 ह्या दुयेंसान पुराय संवसाराक थांबोवन धरला आनी दरेक राज्य हे म्हामारीचे परिस्थितींतल्यान भायर सरपा खातीर खर यत्न करता. ज्या अर्थी दरेक पांवड्या वेल्यो सरकारी प्राधिकारिणी तांच्यो भूमिका निभायतात, तेन्ना थळाव्या स्वराज्य संस्थांक लेगीत संकटकाळाची भूमिका निभावची पडटा. कारण ह्यो थळाव्यो स्वराज्य संस्था म्हळ्यार सरकाराच्या तळागाळांतल्या पांवड्यार वावुरपी प्रशासन विशींच्यो एजंसी (सेवादिणी संस्था) जावन आसात.

## 2. ग्राम पंचायतींच्या मुखावेलीं आव्हानां:

आमचो पुराय देश हे म्हामारी संबंधींच्या तरेकवार आव्हानांक तोंड दिता. आमचें गोंय लेगीत ताका आडवाद ना. त्या खातीर हीं आव्हानां खंयचीं आसात तें समजून घेवन तीं पेलपा खातीर फावो ती कृती येवजण तयार करून ती चालीक लावप म्हत्वाचें थारता. कोवीड 19 चें स्वरूप मतींत धरून थळाव्या सरकारी संस्थांनी सकयल दिल्ल्या स्वरूपाच्यो अडचणी सोडोवच्यो पडटल्यो.

## 2.1 भलायके संबंधीचीं आव्हानां







कोवीड -19 क लागून भलायकेचो मुखेल हुस्को मुखार आसा. लोकांची नितळावणी, आरोग्यशास्त्र आनी त्या संबंदीचे शिश्टाचार हांचे अंमलबजावणेचे नदरेन फावो ती जतनाय घेवंक जाय. जेणे करून कोवीड-19 आनी हेर दुयेंसां पसून दरेक व्यक्तीची राखण जातली. ग्राम पंचायतींक आपल्या वाठारांतली दरेक व्यक्ती, दरेक वॉर्ड आनी पुराय गांव सुरक्षीत आसून जण एकलो भलायकी सांबाळपा खातीर फावो ती जतनाय घेता हाची खात्री करून घेवची पडटली.

### 2.1.1 पंचायतींची भूमिका आनी हीं आव्हानां पेलपा खातीरची तयारी

1. नागरिकां मदीं घेवपाचे जतनाये विशीं, तांचे मदीं सतत जागृताय करप.

2. शाळा, आंगणवाडी, रेशन दुकानां, पंचायत कार्यालयां, भलायकी केंद्रां, बस- स्टॉप्स आनी हेर भौशीक सुवातीनी थारावीक दिसांनी धुंवर मारप (फ्युमिगेशन), नितळसाण मोहीम, असले उपक्रम सगल्या वॉर्डांनी करप.

3. कोरोना पॉझिटिव्ह चांचणी जाल्ल्या लोकांची म्हायती (डेटाबेज) तयार करप. ताका लागून तांचे भलायकेचेर देखरेख करपाक जातली. तांकां फावो ती वैजकी कारवाय करपाक आनी पाठपुरावो करपाक प्रोत्साहन दिवप.

4. घरांनी केल्ल्या संसर्गरोधन (क्वॉरंटायन) काळांत देखरेख दवरप.

5. कार्यावळीं खातीर परवानगी दितगीर गांवच्या लोकांनी घडोवन हाडिल्ल्यो कार्यावळी / हेर संमेलनां हांचेर देखरेख दवरप.

6. ज्येश्ठ नागरीक आनी भुरग्यां खातीर थरावीक कालांतरान भलायकी तपासपाच्यो कार्यावळी, आरोग्य शिबिरां घडोवन हाडप.

7. गांवांतल्या भौशीक शौचालयांत (टॉयलेट) उदकाची पुरवण चालू आसा हाची खातरजमा करप.

8. दरेक पंचायती कडेन वापरपा सारख्यो थर्मल गन्स दवरून थंय येवपी दरेका व्यक्तीची थर्मल गनां वरवीं तपासणी करप.

9. ओल्या आनी सुक्या कोयराची घरच्या घरा अनिवार्य थारायिल्ली वेगळावणी करपा खातीर आनी ताचो विलो लावपा खातीर प्रोत्साहन दिवन, तो थारायिल्ल्या वेळार एकठांय करप.

10. दरेक वॉर्डांतल्या हुस्को करपा सारखी भलायकी आशिल्ले व्यक्तींची वळेरी तयार करप. म्हंटगीर तांचेर फावो ती नदर दवरून ताची जाय ती वैजकी जतनाय घेवंक जातली.

11. नितळावणी आनी निवळसाण मोहिमो घडोवन हाडप.

12. भौशीक सुवातीनी सामाजीक अंतर आनी व्यक्तीगत आरोग्यशास्त्र पाळीनाशिल्ल्यांक, तोंडार मास्क घालीनाशिल्ल्यांक, दंड दिवपाची पद्धत/ रीत थारावप.

13. पंचायतींतले सगले भौशीक सुवातीनी आरोग्यशास्त्र सांबाळप, निवळसाण दवरप, सामाजीक अंतर राखप, प्रवेश ( येवप- वचप) असल्या कामां खातीर शिश्टाचार थारावप / घालून दिवप.

14. कोवीड-19 विशींची प्रत्यक्ष म्हायती (डेटा) सयत उच्च स्वरूपाची जागरुकताय मोहीम निर्माण करप.

15. कोरोनाच्या दुबावीत व्यक्तींक आनी खासा गोंय राज्या भायल्यान गोंयांत परतुवपी दुबावीत व्यक्तींक हाताळपा खातीर येवजणेची / यंत्रणेची मांडावळ करप. भायल्या देशांनी शिरकून उरिल्ले विद्यार्थी, तारवटी आनी हेर लोक गोंयांत परतुवपाची अपेक्षा आसा. ही येवजण भलायकी प्राधिकारीणीच्या पालवान चालीक लावची.

16. तरेकवार सेवा उपलब्ध करून दिवपा खातीर म्हाविद्यालयांच्या आधारान मोबायल ऍप तयार करून सेवा विशींचो तपशील/म्हायती उपलब्ध करून दिवप.

17. लोकां मदली मानसिकता आनी आचरण विशयक बदल हो म्हत्वाचो आसता. म्हंटगीर कोवीड - 1 9 विशींची पुराय म्हायती, आरोग्यशास्त्रा विशींच्यो चालीरिती, जण एकल्यान मुजरत करपाच्यो आनी करीनासतना रावपाच्यो गजाली, सामाजीक अंतराक

पाळो दिवप आनी हेर गजालींचो प्रसार-प्रचार करपाची येवजण आंखून ती चालीक लावप.

18. भलायकेचो सांबाळ करपा विशींची शिक्षणीक कार्यावळ तयार करप.

19. घरांत विलगीकरण केल्ले / संसर्गरोधना खातीर दवरिल्ले व्यक्तीं मेरेन पावपाची तजवीज करप.

20. गरजे प्रमाण फावो त्यो भलायकी सेवा आनी वाशिना (व्हॅक्सिन ) सारख्या सेवांची नियमीत पुरवण जाता हाची खात्री करप.

21. गांवांतल्या दरेक वॉर्डांतल्या शिक्षीत बेरोजगारांची म्हायती (डेटाबेज) तयार करप. ह्या शिक्षीत लोकांक मलमपट्टी करप, रक्तदाब तपासप, रगतांतले साखरेचें प्रमाण तपासप, इंजेक्शनां दिवप आनी हेर निमवैजकी वावराचें प्रशिक्षण दिवप,तेच प्रमाण गोडे मुताचें दुयेंस, ल्हान - सान दुखापती, उच्च रक्तदाब आशिल्ल्यांक सेवा दिवपा खातीर तांचो आधार घेवं येता.

22. कोवीड-19 विशींच्या सेवांच्या संबंधींची गरजेची म्हायती, वेवस्थापन येवजण / आराखडो, सामकी म्हत्वाची म्हायती ( की- इफोर्मेशन) घालून, व्हॉट्सऍपाचे वेगळेवेगळे पंगड ( ग्रुप्स) तयार करूं येतात. हे पंगड दरेक वार्डा खातीर आसचे आनी तांचें नियंत्रण त्या वार्ड सभासदा कडेन आसचें. ह्या पंगडाचेर नियमितपणान म्हायती पावोवप.

23. भलायकी आनी नितळावणी समितीक वावराक लावन वयर सांगिल्ले गजालीं विशींचो अहवाल नेमान मेळोवपा खातीर सरपंचान फुडाकार घेवप.

24. लोकांमदीं जाणवीकाय निर्माण करपा खातीर थळाव्या धर्मीक, सामाजीक, बिन-सरकारी संस्था हांकां आसपावन घेवचें.

25. सरकारा कडल्यान तशेंच जिल्हो प्रशासन, पोलीस आनी भलायकी प्राधिकारिणी हांचे कडल्यान जेन्ना जेन्ना मार्गदर्शक सुचोवण्यो येतात तांची पूर्तताय करप.

## 2.1.2 ज्येश्ठ नागरिकांचेर खासा लक्ष दिवप:



ज्येश्ठ नागरीक हे सगल्यांत चड आघातक्षम /असुरक्षीत घटक आसतात म्हंटगीर तांचेर खासा लक्ष दिवप गरजेचें आसता. गांवांतल्या ज्येश्ठ केंद्रस्थानी मानून तांचेर देखरेख करपी एक पंगड पंचायतीच्यान स्थापन करूं येता.

1. तांचे मदीं संक्रमणाची चड शक्यताय आशिल्ल्यान फोन करून तांची सतत वासपूस करप.

2. तांकां गरजेच्यो वस्तू सामान आनी वखदां हांची पुरवण करपा खातीर आराखडो तयार करप.

3. जर तांकां घरांतच रावचें पडटा, जाल्यार निदान एका म्हयन्याक लागपी वखदां तांचे कडेन आसात हाची खात्री करून घेवप.

4. तांकां दोतोर/ वैज, शेजारी, इश्ट अनी घराब्यांतल्या लोकां कडेन जोडून दिवपा खातीर मदत करप.

5. तांचे हात परते परते धुंवप,  तांच्यो वस्तू आनी जमीन नितळ दवरप आनी भलायकी बरी नाशिल्ल्यां कडेन शारिरीक संपर्क टाळप हाची परत परत याद करात.

6. जर तांची भलायकी इबाडली जाल्यार तांकां बेगोबेग वैजकी मदत/ सेवा मेळच्या खातीर तांची हाड व्हड करपा खातीरची येवजण तयार करात. तांचे भलायकेचेस्थिती संबंधान सप्तकी तपासणी करून घेयात.

7. निरोगी जिणेशैली खातीर सत्वयुक्त आहार घेवप, फावो तितली न्हीद काडप, विडी- सिगार ओडप ना, तरतरीत रावप आनी सोऱ्याचें नियंत्रीत वापर करपा खातीर तांची उमेद वाडोवप.

8. मायेस्त जावन सहवेदना दाखयात. तांचे कडेन उलयात आनी ते कितें सांगतात तें आयकून घेयात. तांच्या ताणांतल्यान भायर सरपाक/ सांवरपाक तांकां मदत करात.

**2.3 अर्थीक आव्हानां:**



गांवांतलीं खूबशीं कुटुंबां टाळेबंदीक लॉकडावन) लागून पोटापाण्याचें साधन गेल्ल्यान आनी येणावळ नाशिल्ल्यान अर्थीक चणचण भोगता आसतलीं. अर्थीक उलाढालींक मार बसला. पर्यटन, हॉटेल उद्देग, भौशीक येरादारी, सेवा उद्देग ह्या म्हत्वाच्या वावरांत परदेशी धनप्रेशण ( धन धाडप) उणे जातलें आनीलोकांचे येणावळीचेर हावळ आयिल्ल्यान थळावें अर्थकारण व्हडा प्रमाणार इबाडटलें. म्हण हो वेळ आमी निश्चितच स्वयंपूर्ण आनी स्वयं- तगावक्षम गांव करपा खातीर यत्न करपाचो आसा. कोवीड-19 काळांत ग्राम पंचायतीं मुखावेलें हें व्हडलें आव्हान जावन आसा. म्हण पंचायतीनी गांवांतल्या लोकांक जिविका ( पोटा- पाण्याचें साधन) उपलब्ध करपा खातीर गांवां भितरच शक्य तो सगलो वावर सोदून काडून चालीक लावंक जाय. म्हण शेती आनी ते संबंधीचो वावर, बागायत, पशूपालन. / कुकडपालन, दुदा- धंदो, नुस्तेंमारी आनी सुक्षीम ( मायक्रो) आनी ल्हान ल्हान उद्देग सुरू करप/ पुनर्जीवीत करप ह्या विशींचे

शक्यतायेचो अदमास लोकांक जिविका मेळोवन दिवपा खातीर खूब म्हत्वाचो थारता. शिवाय उपजीविकेचे पारंपारीक पर्याय, कारगिरी आनी हेर वेवसाय हांचें पुनरुज्जीवन करूं येता.

**2.3.1 हीं अर्थीक आव्हानां पेलपा खातीर पंचायतींची भूमिका:**

1. बागायती सयत शेती उद्देग आनी हेर त्या संबंधीच्यो उद्देजीक कार्यावळीं खाला आशिल्ले संधींची वळेरी तयार करप. त्या खातीर गांवांतले विशिश्ट चर्चात्मक पंगड (एफजीडी), स्वयं साह्य गट, शेतकामती आनी बेरोजगार तरणाटे हांची मदत घेवची.

2. गांवच्या लोकां कडल्यान खंयचीं कामां आनी प्रकल्प चालीक लावंक शक्य आसा तें समजून घेवपा खातीर फाटल्या पांच वर्सांचो ग्राम पंचायत विकास येवजणेचो (जीपीडीपी) अहवाल तपासून पळोवचो. ते प्रमाणे फावो तसो आरा खडो तयार करप.

3. पंचायतींच्या उत्पादन समितींक वावराक लावन शेतीच्या पुनरूज्जीवना खातीर तज्ञांची मदत घेवन

कृती येवजण तयार करप.

4. गांवांतल्या स्वयं साह्य गटांक घेवन शेती, अन्न-प्रक्रिया, दर्जो वाडोवपाच्यो कार्यावळी आनी तांकां संबंधीत अशे हेर उपक्रम चालीक लावप.

5. शेती म्हालाचे विक्री खातीर वेपारी केंद्रां/वेपाराचे वाठार सोदप आनी हेर यंत्रणा चालीक लावप. शेतकाम, बागायत, पशूपालन, म्होवां मुसांचें पालन, रेशमाच्या किड्यांचे पालन, मत्स्यपालन आनी ते संबंधीचो वावर हांतली कुशळटाय वाडोवपी प्रशिक्षण कार्यावळी संबंधीत सरकारी खात्यांच्या पालवान चालीक लावप.

6. पोरसूं करपाक पोत्साहन दिवप.

7. पोरसूं आनी शेतकामाक उपयोग जावपी अशें कंपोस्ट सारें ( व्हर्मीकंपोस्टिंग) तयार करपाक प्रोत्साहन दिवप.

8. ह्या मळांनी वावरून येणावळ वाडोवपाचे नदरेन आपमजत गटांक प्रोत्साहन दिवचें. ताका लागून गांवांत

उपजिविकेच्यो सुक्षीम आनी ल्हान ल्हान संदी लाबून त्यो चालीक लागूंक शकतात.

9. लोकांक गरजे वेळार आवश्यक सेवा पुरवणे खातीर गांवांतल्या आपमजत गटांक प्रोत्साहन दिवचें. (सामूहीक रांदपघर, मास्क शिंवप, घराघरांनी दिसपट्टे जिणेचें सामान पावोवप, संबंधीत वस्तू आनी सेवा मेळोवन दिवप, आनी हेर).

10. पंचायतीं खातीर येणावळीचे पर्यायी स्रोत सोदपाचे नदरेन अभ्यास करप आनी त्या संबंधीची कृती येवजण चालीक लावप.

11. सामुदायीक शेती करपा खातीर कोमुनिदादीचे मालकीची वा हेर पडंग जमीन सोदून काडप.

12. उदक मेळोवपाच्यो सुवाती उसपून राळ भायर काडपाचे प्रकल्प थारावप/ चालीक लावप. त्या भायर गांवांतल्या लोकांक फायदो मेळपा सारखीं गांवांतलीं सैमीक संसाधनां हेरून तांचेर आधारिल्ले प्रकल्प चालीक लावप.

## 2.4 सामाजीक आव्हानां:



सध्याचे सामाजीक परिस्थितींत खूब सामाजीक प्रस्न उप्रासपाची शक्यताय आसा. तातूंत सोच्याचें व्यसन, घुंवळी वखदां, बायलांची मस्करी करप, बायलांचेर अत्याचार करप, लैंगीक पिडापिडेच्यो चड घडणूको, शाळांतल्यान विद्यार्थ्यांची गळटी जावप, बेकारीक लागून चोरी, दरोडे, घराब्यांतलो हिंसाचार आनी हेर तरेच्यो गजाली आसपावतात. भारता सयत संवसारांत सगले कडेन टाळेबंदीच्या ( लॉकडावन) काळांत घरगुती अत्याचार वाडिल्ल्याचें दिसून आयलां. ह्या टाळेबंदीच्या काळांत विद्यार्थी लेगीत आपल्या अभ्यासा पसून पयस उरल्यात. म्हणटकच हो प्रस्न गांवांचे नदरेन खूब म्हत्वाचो आसा. ताका लागून असले प्रस्न गांवांतल्यान उणे जावचे हाचे खातीर यत्न करूंक जाय. गांवांतल्या तरणाट्यांक अर्थपूर्ण जबाबदाऱ्यो आनी उपक्रमांत आसपावन घेवप गरजेचें आसा.

### 2.4.1 सामाजीक आव्हानां पेलपाच्या वावरांत पंचायतींची भूमिका:

1. गांवांतल्या तरणाट्यांक अर्थपूर्ण उपक्रमां मदीं आसपावन घेवप.

2. गांवांतल्या तरणाट्यां खातीर कुशळटाय सुविधा पुरवण आनी स्वयं-रोजगार उपक्रम.

3. निर्शेणी, एकलेपण असल्या प्रस्नांचेर अदीं- मदीं सत्रां घेवन प्रेरकताय निर्मणी.


4. गांवांतल्या तरणाट्यांक/ विद्यार्थ्यांक पंचायतीच्या / गांवांच्या तरेकवार समितींचेर वांगडी म्हण रुजू जावपाक सांगचें. ताका लागून ते दरेक समितीच्या वावरांत समरसून आपलें योगदान दिवंक शकतले.

5. मोबायल कसो कुशळटायेन वापरचो ( इ- स्कील) हें शिकोवपा खातीर तरणाट्यांक सांगचें. (देखीक- स्वयं साह्य गटांतल्या (अस्तुऱ्यांक), ज्येश्ठ नागरिकांक आनी समाजांतल्या हेरांक मोबायल कसो वापरप आनी तरेकवार ऍपां कशीं आसपावन घेवप (डावनलोड करप) असली कुशळटाय). ताका लागून समाजामदीं व्यापक प्रमाणार तंत्रगिन्यानाचो प्रसार जावंक पावतलो.

6. थळावे तरणाटे, गांवांतल्या तरणाट्यांची, गांवांतल्या पुराय घरांची म्हायती (डेटाबेज) तयार करूंक शकतात.

सरकारी आनी भौशीक मालमत्तेची यादी, त्याच प्रमाण वाडे, रस्ते, थळां हांच्या नांवांचे तकटे (सायनेजीस) आनी संपर्क/ संचार आराखडो हो तांचे कडल्यान तयार करूं येता.

### 2.5 मानसीक प्रस्न:



नोकरी वचप, रोजगार मेळपा विशींच्यो संधी सामक्यो उणे जावप हाका लागून लोकांचेर मानसीक ताण येतलो. ताचो परिणाम म्हण फुडाराक निर्शेणी, मानसीक ताण, घराब्यांत बेबनाव, नाते-संबंदाचेर वायट परिणाम आनी हेर असल्यो मानसीक समस्या उप्रासपाची शक्यताय आसा. कोवीड-19 काळांत लोकां मदीं मानसीक ताण - तणाव वाडोवपी घडणुकां मदीं वाड जाल्ल्याचे अहवाल येत आसात.

#### 2.5.1 मानसीक प्रस्न हाताळपाचो पंचायतीं खातीर वावर:

1. थरावीक काळांत चेपण वेवस्थापन सत्रां ( स्ट्रॅस मेनेजमेंट) घडोवन घाडप. तांची ध्वनिचित्रफीत तयार करून ती सगले कडेन दाखोवप.

2. वेळेच्या वेवस्थापनाचीं सत्रां पंचायतींत घडोवन हाडप.

3. पंचायत वाठारांत समुपदेशन केंद्र स्थापन करप. प्रत्यक्ष आनी फोना वेल्यानय समुपदेशन करूंक मेळपाची वेवस्था करप.

4. सगल्या समितींक ह्या उपक्रमांत वांटेकार जावपा खातीर प्रोत्साहीत करप.

5. घराब्यांतल्यो हिंसाचार, अत्याचार आनी हेर प्रस्नां खातीर हेल्पलायन करप. हो वावर 'सांगात' मान सोपचार आनी मानवी वर्तनसंस्था (आयपीएचबी) वा हेर खंयचेय सेवादिणी संस्थेच्या पालवान करूं येता.

## 2.6 असंघटीत मनीस बळाच्या वेवस्थापनांत पंचायतींची भूमिका:

अर्थकारणांत गांवांतलें असंघटीत मनीस बळ आपलें योगदान दीत आसता. हें असंघटीत मनीसबळ पंचायतीन घालून दिल्ल्या आरोग्यशास्त्र आनी

भलायके विशींच्या शिश्टाचारांक पाळो दिता मूं हाची थारावीक कालांतरान देखरेख करपाची जबाबदारी पंचायतींचेर आसता.

1. दरेक वार्डांतल्या असंघटीत मनीस बळाची / कामगारांची वळेरी (डेटाबेज) तयार करप.

2. वावराच्यो सुवाती सोदप. मागीर रोजगारदारा वरवीं सामाजीक अंतर आनी व्यक्तीगत आरोग्यशास्त्र च्यो गजाली पुराय करूंक जातात.

3. प्राथमिक भलायकी केंद्रां कडल्यान असंघटीत कामगारां मदीं दुयेंसाचीं लक्षणां दिसतात काय ना हाचे विशीं थारावीक कालांतरान तपासणी करप.

4. आंगणवाडी शाळा मदीं जर स्थलांतरीत श्रमिकांची भुरगीं आयलीं जाल्यार तांची थारावीक दिसांनी वैजकी तपासणी करप.

5. गरज पडल्यार सामूहिक रांदपघर चलोवप.

### 3. पंचायतीं कडल्यान चडावत येत्न:



वयर सांगिल्ल्या त्या सगल्या मुद्यां वांगडाच पंचायतीन फुडे दिल्ले उपक्रमय चालीक लावपाक जाय. ताका लागून तांचे मुखा वेलीं आव्हानां अदिक परिणामकारक रितीन पेलप शक्य जातलें.

#### 3.1 डेटाबेज तयार करप:

वेगवेगळे सेवा पुरवणदार / सरकाराचीं खातीं / स्वयंसेवी संस्था / शाळा आनी म्हाविद्यालयां हांचे लागीं पंचायतीन संपर्क-संस्था कशें काम करूंक जाय. ह्या सगल्यांची पुरायेन म्हायती (डेटाबेज) सरपंच, सचिव, पंच आनी ग्रामविकास समितींचे निमंत्रक हांणी तयार करून दवरप गरजेचें आसा.

1. सगलीं म्हत्वाचीं कार्यालयां / अधिकारी / पुलीस, तुमच्या वाठारांतले मुख्याध्यापक / कॉलेजींचे प्रिंसिपॉल / डॉक्टर्स / वैजकी पेशांतल्यो व्यक्ती, थळावें उजो पालोवपी दळ आनी आपत्कालीन सेवा दिवपी, आनी हेरांची म्हायती (डेटाबेज) तयार करप.

2. दरेक वार्डांत रावपी सगल्या आनी खासा एकलेपणान रावपी ज्येश्ठ नागरीक आनी तांची पुराय म्हायती टेलिफोन नंबरां सयत तयार करप.

3. गांवांतल्यो सगल्यो संस्था, क्लब, हांचे संपर्का खातीरची पुराय म्हायती एकठांय करप.

4. दरेक वार्डा खातीर थंयच्च्या घरांची संपर्क दवरपा विशींची म्हायती तयार करप. ही म्हायती एकठावपा खातीर एनएसएस स्वयंसेवक, एनसीसी कॅडेट्स, शिक्षकांची, वार्ड मेंबर्स आनी विद्यार्थी हांची मदत घेवची. (तांचे कडल्यान तयार करून घेवची)

5. गांवांत रावपी असंघटीत मनीसबळाची म्हायती (डेटाबेज) तयार करप.

6. दरेक वार्डांतल्या विद्यार्थ्यांची दरेक वार्डाची वेगळी म्हायती (डेटाबेज) तयार करप.

7. गांवांतल्या लोकांक गरजे वेळार संपर्क करपा खातीर प्लंबर, इलेक्ट्रिशियन, मेस्त, थवय आनी हेर सेवा पुरवणदारांची वळेरी (नांवदर्शिका) तयार करप.

## 3.2 गांव पांवड्या वयल्या समितींक क्रियाशील करप:

गांवांतल्यो ग्राम विकास समिती आनी हेर समितींक क्रियाशील करप गरजेचें आसा. ग्राम पंचायतींचे सदस्य, वांगडी तांच्या मुखार आशिल्ली ही म्हाकठीण जापसालदारकी एकलेपणान पुरायक करूंक शकचे नात. असल्या वेळार ह्यो सगल्यो समिती पंचायत समितीक पालव करूंक शकतात,

### 3.2.1 समितींची भूमिका:

ग्राम विकास समितीन सरपंच आनी हेर वांगडी हांचे बराबरीन रावन वावर चालीक लावचो.

अ) ग्राम विकास समितींच्यान प्रवास, भोंवडी करून आयिल्ल्यो व्यक्ती आनी तांचे भोंवडेचो तपशील जाहीर करून तो हेल्पलायन नंबराचेर प्राथमिक भलायकी केंद्र, सामूहिक भलायकी केंद्र हांगा कळीत करप शक्य आसा. जे राज्या भायल्यान गांवांत निकतेच आयल्यात तांकां सोदून काडपाच्या वावरांत ग्राम विकास समितीन मदत करूं येता.

आ) गांवांत रावपी ज्येश्ठ नागरिकांची नोंद ग्राम विकास

समितीनी करून दवरची आनी जेन्ना रेशन, भलायकी सेवा असले सेवांची पुरवण करतात तेन्ना तांचे मेरेन ती सेवा पावतली हाची जतनाय हे समितीनी घेवची.

इ) गरजेच्यो सेवा आनी रेशन सामान सगल्यांक मेळचें म्हण दरेक वार्डांत ग्राम विकास समितींच्यान वितरण केंद्राची सुवात थारावची.

ई) ग्राम विकास समितीनी टाळेबंदीचेर (लॉकडावन) आनी त्या विशींची बंधनां ( जीं अधिकारिणी वेळावेळार घालतली) देखरेख करची आनी जो शिश्टाचारांक पाळो दिना ताचे विशीं संबंधीत प्राधिकारीणीक अहवाल धाडचो.

उ) ग्राम विकास समितीनी गरजवंतांची वळेरी करची, म्हंटगीर तांकां जाय ती मदत पावोवप सोंपें जातलें.

ऊ) गांवांतली सेवा पुरवण, रेशन वांटप हाचेर ग्राम विकास समितीनी देखरेख करची.

ए) गांवांतले तरणाटे हेरून तांकां गांवांतल्या स्वयं साह्य

गटाच्यो वांगडी, ज्येश्ठ नागरीक हांकां स्मार्ट फोन कशे हाताळचे हाची म्हायती दिवपाक फुडें काडचें.

ऐ) ग्राम विकास समितीनी दरेक वार्डा खातीर जागरूक पंगड (व्हिजिलंट ग्रूप) तयार करचो.

हो पंगड वार्डांत येवपी लोकांचेर नदर दवरून ते सामाजीक अंतर पाळटात कांयना, त्याच प्रमाण पसरकार, दुकानदार, गिरायक हे सामाजीक अंतर पाळटात कांय ना हाचेर देखरेख करतले. तें करपा खातीर सादूर रावन जागरुकताय भोंवडी करप गरजेची आसा.

ओ) लोकांक गरजेच्यो आशिल्ल्यो सेवा- क्लिनिक्स, किराणामालाचीं दुकानां , रेशनाचीं केंद्रां हीं उक्तीं आसतलीं आनी तीं चालू आशिल्ल्यान लोकांच्यो दिसपट्ट्यो तकालसी उणे जातल्यो हाची जतनाय घेवप.

### 3.3 सार्वत्रीक काळजी, पूर्व तयारी

1. पंचायतींनी पावसाळ्या खातीर आनी त्या काळांत जावपी मलेरिया, डेंग्यू सारख्या आनी हेर तत्सम दुयेंसांक तोंडदिवपाची सिद्धताय करप.

2. कोयराची विभागणी (ओलो-सुको) करपा खातीर आनी ताचो विलो लावपा खातीर लोकांक शिक्षीत करप.

3. चवथी सारख्या उत्सवांच्या काळांत पंचायतीं मुखार हाताळपाक येवपाचे प्रस्न सुटावे करपा खातीर सिद्धता करप.

4. सामकीच गरज पडल्यार सामुदायीक रांदपघर चलोवपाचो आराखडो तयार दवरप. हो वावर गांवांतल्या स्वयं साह्य गटांचेर सोंपोवंक येता. गांवांतल्यो प्राथमिक शाळा हीं रांदपघरां चलोवपाची केंद्रां म्हण वापरूंक शकतात.

5. कोवीड-19 पॉझिटिव्ह मनीस (दुयेंत) आनी ताच्या/तिच्या घराब्याच्या वांट्याक लांछन येवं नये म्हण जतनाय घेवप. आवश्यक सेवा पुरवण करपी भलायकी जतनाय घेवप्यांक वास्तविक आनी मुळावी म्हायती दिवप.

6. विवेकपूर्ण जाणविकायेन येवजण्यो आखून भलायकेचे जतनायेच्यो सुविधा, सध्या आशिल्ल्यो साधन-

सुविधा-पाणवटे, गांवांतले रस्ते आनी हेर, हांकां निधीची गरजेनतजवीज करप.

7. खंयचेय आपत्तीक तोंड दिवपा खातीर आपत्ती वेवस्थापन आराखडो तयार दवरप.

(सुचोवणी: हे म्हायती कोठयेंत सुचयिल्लीं/ सांगिल्लीं ग्राम पंचायतींच्या मुखावेलीं आव्हानां आनी कार्यावळी/ वावर सर्वांगपूर्ण नात. पंचायतींनी हे म्हायती कोठयेंतले म्हायती आनी सुचोवण्या सयत भर घालपा खातीर असलीं नवीं आव्हानां, चडावत वावर आनी नवे-नवे तोडगे (सुटोवणी) नदरेक हाडून दिवचीं)

( आमी एकवटान कोवीड-19क हारोवया)

**GOA INSTITUTE OF PUBLIC ADMINISTRATION & RURAL DEVELOPMENT**

Ela Farm, Old Goa 403402,
Tel : 0832-2285985, 2285755,2284004
Email : gird.goa@nic.in | www.gipard.gov.in